Panaji National 3rd January 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत  भगवान बुद्धां संबंधित पवित्र पिपरहवा अवशेषांच्या भव्य आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शनाचे उक्तावण करतले.

प्रधानमंत्र्याच्या प्रागति हे मुखेल व्यासपीठाक लागून देशभरातल्या प्रकल्प आनी म्हत्वाच्या कल्याणकारी येवजनांच्या अंमलबजावणीत गती आयला अशें कॅबिनेट सचिव टी. व्ही. सोमनाथन हाणी सांगले.

इलॅक्ट्रॉनीक घटक उत्पादन येवजणेच्या तिसऱ्या टप्प्या खाला केंद्र सरकारान 22 नव्या प्रस्तावांक मान्यताय दिल्या.

मध्य प्रदेशाचे मुख्यमंत्री मोहन यादव हांणी इंदौरांतल्या दूषित पिवपाच्या उदकाच्या घडणुके संबंदी राज्य सरकाराच्या अधिकाऱ्यांनी उबारिल्ल्या पावलांचो नियाळ घेतलो.

भारतीय हवामान खात्यान आज दिल्ली, हरियाणा, पंजाब आणि चंदीगडत दाट धुक्याचो  'रेड अलर्ट' जारी केला.

Piprhwa –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत राय पिथोरा सांस्कृतिक संकुलात भगवान बुद्धां संबंधित पवित्र पिपरहवा अवशेषांच्या भव्य आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शनाचे उक्तावण करतले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी म्हणलां की इतिहास, संस्कृताय आनी भगवान बुध्दाच्या आदर्शां विशीं आस्था आशिल्ल्यां खातीर हो एक सामको खाशेलो दीस.ह्या प्रदर्शनांत एक शेंकड्या परस चड काळा उपरांत परतून हाडिल्ले पिपरहवा अवशेश तशेंच नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय संग्रहालयांत आनी कोलकाताच्या भारतीय संग्रहालयांत सांबाळून दवरिल्ले पिपरहवाचे संबंधित प्रामाणिक अवशेश आनी पुरातत्वीय साहित्य प्रदर्शित केला अशें तांणी सांगलें.

Cabinet –

प्रधानमंत्र्याचे प्रो-ॲक्टिव्ह गव्हर्नन्स अँड टाइमली इम्प्लिमेंटेशन ( PRAGATI) हे मुखेल व्यासपीठ देशभरातले प्रकल्प आनी म्हत्वाच्यो कल्याणकारी येवजनांच्या अंमलबजावणीक गती दिल्या अशें कॅबिनेट सचिव टी. व्ही. सोमनाथन हाणी सांगले.

आतां मेरेन प्रगतीच्या 50 बसकांनी 85 लाख कोटी रुपयांच्या 3300 परस चड प्रकल्पांचो नियाळ जाला अशें प्रगती विशीं नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन संवाद सादतना सोमनाथन हाणी सांगलें. तशेंच 'वन नेशन वन रेशन कार्ड' आनी प्रधानमंत्री जन आरोग्य येवजणे सयत वट्ट 61 सरकारी येवजण्यांचो हेर प्रकल्पां सयत नियाळ घेतला अशें तांणी सांगलें.

कॅबिनेट सचिवांनी सांगले, प्रगती-आधारित प्रणालीक लागून वेगवेगळ्या प्रकल्पां संबंधित ७ हजार ७३५ समस्यांपैकी ७ हजार १५६ समस्या सोडवपाक यश मेळा. देशांतल्या वेगवेगळ्या पांवड्यार भौशीक प्रकल्प आनी येवजण्यां खातीर एक व्यापक उपाय म्हणून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी प्रगति ही संकल्पना मांडिल्ली अशें सोमानाथन हांणी सांगलें.

Electronics –

इलॅक्ट्रॉनीक घटक उत्पादन येवजणेच्या तिसऱ्या टप्प्या खाला केंद्र सरकारान 22 नव्या प्रस्तावांक मान्यताय दिल्या. जातूंत 41 हजार 863 कोटी रुपयांच्या गुंतवणूकेचो अदमास आसा. मोबायल उत्पादन, दूरसंचार, गिरायक इलॅक्ट्रॉनिक्स, धोरणात्मक इलेक्ट्रॉनिक्स,मोटारी आनी आयटी हार्डवेअर सयत 11 लक्ष्य क्षेत्रांतल्या उत्पादनांचो हे मंजुरीत आस्पाव आसा. ह्या प्रकल्पांक लागून दोन लाख 58 हजार कोटी रुपया मोलाचें उत्पादन जातले आनी सुमार 34 हजार प्रत्यक्ष नोकऱ्यो निर्माण जातल्यो असो अदमास आसा. हे वेळार उलयतना इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, व्हड सुदारणा चालीक लावप आनी अंमलबजावणी नेटान करप हीं मोदी सरकाराचीं मुखेल वैशिष्ट्या.

इलेक्ट्रॉनिक्स घटक उत्पादकांक डिझाइन टीम्स स्थापन करपाक प्रोत्साहन तांणी दिलें, खास करून एक समान डिझायन पर्यावरण यंत्रणेची गरज तांणी उक्तायली.

Vaishnaw –
मुंबय-अहमदाबाद बुलेट ट्रेन प्रकल्पा खाला महाराष्ट्रांतल्या पालघरांतल्या विरार आनी बोइसर हांकां जोडपी सुमार देड किलोमीटर लांबायेच्या बोगद्याचें खणकाम यशस्वीपणान पुराय जाल्ल्याची म्हायती रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल दिली. हो प्रकल्पा खातीर एक म्हत्वाचो वाटचिरो. महाराष्ट्रांतल्या पालघरांत व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं हाय-स्पीड टनल ब्रेकथ्रू कार्यावळीत उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, या प्रकल्पात सात पर्वतीय बोगदे आनी एक सागरी बोगदो आसा. मंत्र्यांनी स्पष्ट केले की बुलेट ट्रेन मध्यमवर्गाखातीर परवडपी आणि सोयीस्कर येरादारीचे साधन ठरतले. फुडल्या वर्सा 15 ऑगस्ट मेरेन भारताची पयली बुलेट ट्रेन तयार जातली अशें रेल्वे मंत्र्यान सांगलें. बुलेट ट्रेन कॉरिडोर टप्प्या टप्प्यान सुरू जातलो आनी पयली high-speed train सुरत-बिलिमोरा मार्गाचेर चलतली अशें तांणी सांगलें.

Jaishankar –
भारताक आतंकवादा आड स्वतःचे रक्षण करपाचो अधिकार आसा आनी भारतान आपली राखण कशी करची हें कोणूच थारावंक शकना अशें परराश्ट्र मंत्री एस.जयशंकर हाणी म्हळां. ते चेन्नयांत आयआयटी मद्रास टेक्नो एंटरटेनमेंट फेस्टिवल - शास्त्र 2026 च्या उक्तावण सुवाळ्यांत उलयताले. भारत आपल्या सुरक्षेखातीर जें कितें गरजेचें तें करतलो अशें तांणी सांगलें. Byte 26

Madhya Pradesh –
मध्य प्रदेशाचे मुख्यमंत्री मोहन यादव हांणी इंदौरांतल्या दूषित पिवपाच्या उदकाच्या घडणुके संबंदी राज्य सरकाराच्या अधिकाऱ्यांनी उबारिल्ल्या पावलांचो नियाळ घेतलो. मुख्यमंत्र्यान इंदौर नगरपालिका आयुक्त आनी अतिरिक्त आयुक्ताक कारणा दाखय नोटीस जारी करपाचे निर्देश दिले. तशेंच अतिरिक्त आयुक्ताची इंदूरांतल्यान बेगोबेग बदली करपाचो आनी प्रभारी अधीक्षक अभियंत्याकडल्यान उदक वाटपाच्या कामाचो कार्यभार काडून घेवपाचो निर्देश दिले.
इंदौर घडणुके उपरांत राज्यांतल्या हेर वाठारांनी सुधारणात्मक उपाय येवजण्यो सुरू आसात अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

इतले मजगतीं, इंदौराच्या भागीरथपुरा वाठारांतल्या पिवपाच्या उदकाच्या दूषित घडणुके संबंदी मध्य प्रदेश सरकारान काल मध्य प्रदेश उच्च न्यायालयाच्या इंदौर खंडपिठा मुखार स्थिती अहवाल सादर केला. न्यायालयांत 6 जानेवारीक ह्या अहवालाचेर सविस्तर सुनावणी जातली.

Judges –
केंद्र सरकारान झारखंड उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश म्हणून न्यायमूर्ती महेश शरद चंद्र सोनक हांची नेमणूक करपाक मान्यताय दिल्या. केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी न्यायमूर्ती सोनक हांच्या नियुक्तीक मान्यताय दिल्या.सध्या मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश आशिल्ले न्यायाधीश सोनक सध्याचे मुखेल न्यायाधीश निवृत्त जाले उपरांत ह्या म्हयन्याचे 8 तारखेक पदभार स्वीकारतले. सर्वोच्च न्यायालयाच्या कॉलेजियमान हालींच जाल्ले बसकेंत केल्ले शिफारशी उपरांत ही नेमणूक जाल्या.

तशेंच सर्वोच्च न्यायालयाच्या कॉलेजीयमान केल्ल्या शिफारशी प्रमाण पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयांत दोन न्यायाधीशांच्या नेमणूकेक सरकारान मान्यताय दिल्या. अधिसुचोवणे प्रमाण न्यायाधीश रमेश चंद्र डिमरी आनी न्यायाधीश नीरजा कुलवंत कलसान हांची पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयाची अतिरिक्त न्यायाधीश म्हणून दोन वर्सां खातीर नेमनुक केल्या.

Singh –
फुडल्या दोन दशकांत देशाची वाड अंतरिक्ष, दर्या, जैवतंत्रज्ञान, निवळ उर्जा, आनी प्रगत उत्पादन ह्या सारक्या नवनिर्माणांतल्यान चलपी क्षेत्रांक लागून जातली अशें विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री जितेंद्र सिंगा हाणी सांगलां. नवी दिल्लीत, डॉ. सिंह हाणी सांगलें , आज सरकार वेगवेगळ्या विभाग आणि मंत्रालयांनि करता त्यो सगळ्यो प्रमुख सुधारणा तंत्रज्ञानाचेर आधारित आसतात. खाजगी क्षेत्रात संशोधन आणि विकासाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर १ लाख कोटी रुपयांच्या संशोधन, विकास आणि नवोन्मेष निधीची निर्मिती ही २०२५ वर्सातली एक महत्त्वाची कामगिरी आशिल्ल्याचे तांणी नमूद केले. मजगतीं, मुखेल वैज्ञानिक सल्लागार प्राध्यापक

अजय कुमार सूद हांणी आकाशवाणी कडेन उलयतना सांगलें, फुडल्या सप्तकांत ड्रोन शक्ति मिशन सुरू जातलें. ताका लागून भारतांत उच्च दर्ज्याच्या ड्रोन घटकांचें संशोधन आनी विकास आनी उत्पादन जातलें अशें तांणी सांगलें.

UGC –
हिमाचल प्रदेशांतल्या धर्मशाळात सरकारी पदवी महाविद्यालयांत जाल्ल्या दुख्खद आत्महत्या विशीं विद्यापिठ अनुदान आयोगान UGC गंभीर दखल घेतला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत UGCन तथ्य सोद समिती घडोवपाचो निर्णय घेतला अशें सांगलां. गुन्यांवकारांक सोडचे नात आनी खर कारवाय करतले अशे आश्वासन युजीसीन दिला. विद्यार्थ्यांची सुरक्षीतताय सगळ्यांत म्हत्वाची आसा हाजेर युजीसीन भर दिलो.

Chauhan –
शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवप हें केंद्र सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. शेतकारांच्या कल्याणा खातीर जायत्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात अशे,नाशिकांत उलयतना मंत्र्यांनी सांगलें.शेतकी क्षेत्र घटमूट करपा खातीर गरजेचे सगळे यत्न चालू उरतले अशे आश्वासन तांणी दिले.

Textile –
सरकारान वस्त्रोद्योगा खातीर उत्पादन लिंक्ड प्रोत्साहन (पीएलआय) येवजणे खाला नवे अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक अंदू 31 मार्च मेरेन वाडोवपाची घोशणा केल्या. फाटल्या वर्सा ऑगस्टांत अर्ज पोर्टल परतून सुरू जाले उपरांत म्हत्वाचो प्रतिसाद मेळिल्ल्यान उपरांत ही वाड केल्या अशी म्हायती कापड मंत्रालयान दिल्या.

IMD –
भारतीय हवामान खात्यान (आयएमडी) आज दिल्ली, हरियाणा, पंजाब आणि चंदीगडत दाट धुक्याच्या स्थितीखातीर 'रेड अलर्ट' जारी केला. तशेंच हिमाचल प्रदेशांत काय सुवातींनी कुडकुडयाचें शि पडपाचो अदमास उक्तायला.

Hockey –
हॉकी इंडियान भारतीय बायलांच्या हॉकी पंगडाचो मुखेल कोच म्हणून स्जोर्ड मारिनची नेमणूक केल्या. टोकियो ऑलिंपिक खेळां सर्तींत इतिहासीक कामगिरी करून डच प्रशिक्षक भारतीय पंगडांत परत आयला.

Cricket –
भारतीय दादल्यांचो 19 वर्सां सकयल्लो  क्रिकेट पंगड आज  बेनोनीच्या विलोमूर पार्कांत  तीन मॅचींच्या वनडे माळेंतल्या पयल्या मॅचींत  दक्षिण आफ्रिके आड खेळटलो. भारतीय वेळा प्रमाण हो खेळ आयज दनपारां 1:30 वरांचेर सुरु जातलो. 15 जानेवारी सावन सुरू जावपी आयसीसी 19 वर्सां सकयल्या विश्वचषका पयली दोनूय पंगडां खातीर ही माळ तयारीची एक बरी संद आसा.

Shooting –
नेमबाजीत भोपाळांत जाल्ले 68वे नॅशनल शूटिंग चॅम्पियनशिपांत (रायफल) हरियाणाच्या अमीराह अरशदान रेल्वेच्या राजश्री अनिलकुमार संचेतीक हारोवन 10 मीटर एअर रायफल बायलांचे फायनलींत भांगरा पदक जिखलें. छत्तीसगढच्या प्रांजू श्री सोमनीन कांस्य पदक जिखलें.
नवी दिल्लीत डॉ. कर्णी सिंग नेमबाजी संकुलात जाल्ल्या सर्तींत उत्तर प्रदेशच्या झुहैर खानान दादल्यांच्या ट्रॅप प्रकारात भांगरा पदक जिंकले.